आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

Date :08/02/2026 खबरो 7.20 pm

मुखेल खबरो

भारतीय समाजा हो भारत आनी मलेशियाक जोडपी 'जिवित पूल' आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.

भारत-अमेरिका अंतरीम वेपार कबलात  निष्पक्ष, न्याय्य आनी  संतुलित आसा, जाका लागून शेतकारांच्या हिताची राखण जाता अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी म्हणला .

घरमंत्री अमित शाह छत्तीसगडातल्या रायपूरांत अतिरेकीवादावेल्या उच्चल्या पांवड्यावेल्या सुरक्षा नियाळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले

काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर जाल्ले टी-20 विश्वचषकाचे तिसरे मॅचींत भारतान अमेरिकेक 29 धांवड्यांनी हारयलो

१४५

भारत-मलेशिया संबंदांचें मार्गदर्शक तत्व म्हळ्यार 'इम्पॅक्ट', जाचो अर्थ'इंडिया-मलेशिया पार्टनरशिप फॉर ॲडव्हान्सिंग कलेक्टिव्ह ट्रान्सफॉर्मेशन' असो जाता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. प्रधानमंत्री मोदी मलेशियाक दोन दिसांचे अधिकृत भेटीचेर आसात . काल कुआलालंपूरांत 'सेलामत दातंग मोदी कार्यावळींत ताणी भारतीय समाजाक मागदर्शन केलें. सुमार 15 हजार लोकांच्या मेळाव्याक मागदर्शन करतना भारतीय समाजा हो भारत आनी मलेशियाक जोडपी 'जिवित पूल' आसा अशें ताणी सांगलें.

भारत आनी मलेशिया आतां एकठांय मुखार वतात, भारताची उदरगत मलेशिया आनी आशियांतल्या प्रगतींतूय योगदान दिता.. भारताक आतां उदरगती खातीर एक विस्वासपात्र भागीदार म्हणून पळयतात हाचेर तांणी भर दिलो. भारत आनी मलेशिया हांचे मदल्या वाडट्या  अर्थीक सहकार्याचेर भर दितना ताणी सांगलें की मलेशियांत शंबरां वयर भारतीय आयटी कंपनीं काम करतात, जाका लागून हजारांनी नोकऱ्यो निर्माण जातात.तशेच भारताचें डिजिटल पेमेंट प्लॅटफॉर्म यूपीआय बेगीनूच मलेशियांत सुरू जातलें अशें तांणी जाहीर केलें. तशेंच भारतांत शिकपी विद्यार्थ्यां खातीर तिरुवल्लूवर शिश्यवृत्ती सुरू करपाची आनी मलेशियांत नवे भारतीय वाणिज्य दूतावास सुरू करपाची घोशणाताणी केली.

50

मलेशियाची राजधानी कुआलालंपूरांत भारतीय समाजा मुखार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दिल्लें संबोधन हे  दोनूय देशां मदले खोल इतिहासीक आनी संस्कृतीक संबंद दाखयता अशें उपराष्ट्रपती  सी.पी.राधाकृष्णन हांणी म्हणला. हातूंतल्यान भारताच्या सांस्कृतीक दायजाक चालना दिवपाची खर वचनबद्धताय दिसून येता. अशा उपक्रमांक लागून सांस्कृतीक संबंद घट जातात आनी आमचें गिरेस्त दायज संवसारीक पांवड्यार पातळटा अशेंताणी म्हणला .

३०

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी काल छत्तीसगडमधल्या बस्तरचे विभागीय मुख्यालय आशिल्या जगदलपूरात बस्तर पांडुम महोत्सवाचे उक्तावण केले. Byte राष्ट्रपती

. छत्तीसगढाच्या विकासा विशी आनी मावोवादाविशी उलयताना राष्टपतीनी म्हणले Byte राष्ट्रपती मावोवादा३५ सेक

१००/१८०

भारत-अमेरिका अंतरीम वेपार कबलात  निष्पक्ष, न्याय्य आनी  संतुलित आसा, जाका लागून शेतकारांच्या हिताची राखण जाता अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें. भारतांत गंव, तांदूळ, साकर, सोयाबीन सयत शेतकी आनी दुदाचे उत्पादनांचें व्हडलें निर्गत पोर्टफोलियो आसा आनी तांकां कर सवलतींतल्यान सुट दिल्या अशें तांणी नदरेक हाडलें. निर्गत वाडोवप, रोजगार निर्माण करप आनी वर्स 2047 मेरेन देशाक विकसीत भारताच्या ध्येया दिकेन मुखार व्हरप हो ह्या कबलातीचो हेत  आसा अशे ताणी सांगलें.काल नवी दिल्लींत भारत-अमेरिका संयुक्त निवेदना विशीं पत्रकारांक म्हायती दिली .  ह्या कबलाती खाला भारतीय निर्गतीचेर शुल्क पयलीं 50 टक्क्य आशिले ते आता 18 टक्क्यां मेरेन उणें केलां. चीन, पाकिस्तान, बांगलादेश, व्हिएतनाम ह्या शेजाऱ्या देशां परस आतां भारताक कर दर उणे जाल्ल्यान फायदो जाता अशें तांणी स्पश्ट केलें. ह्या कबलातीक लागून शेतकी आनी दुदाचे क्षेत्राची राखण जाता, जाल्यार मसालो, च्या, कॉफी, काजू, केळीं, आंबे, किवी आनी पपई सारकिल्ल्यो जायत्यो शेतकी उत्पादनां अमेरिकेंत शुल्कमुक्त आसतली हचेर ताणी भर दिलो. फुडल्या वर्सांनी भारत-अमेरिका द्विपक्षीय वेपार 45 लाख कोटी रुपया मेरेन वाडोवपाचो सरकाराचो हेत आसा अशें ताणी सांगलें. ह्या कराराक लागून गुंतवणूकदारांक नवी संद मेळ्ळया. हे संदीचो लाव घेवपाचो उलो ताणी मारलो

९५

घरमंत्री अमित शाह तीन दिसांच्या भोंवडेर काल सांजे  छत्तीसगडाक रायपूर पावलो. हे भेटी वेळार राज्यांतल्या अंतर्गत सुरक्षा आनी उदरगती संबंदीत वेगवेगळ्या कार्यावळींनी ते वांटो घेतले .ते आयज रायपूरांत अतिरेकीवादावेल्या उच्चल्या  पांवड्यावेल्या सुरक्षा नियाळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले, जातूंत केंद्र आनी राज्य सरकाराचे वरिश्ठ अधिकारी तशेंच सुरक्षा एजन्सीचे प्रतिनिधी हाजीर आसतले. उपरांत ते "छत्तीसगढ़ @ 25: बदलपी नदर" ह्या राष्ट्रीय परिशदेंत मुखेल सोयरो म्हूण वांटो घेतले.

फाल्यां जगदलपूरांत जावपी बस्तर पांडम महोत्सवाच्या समारोप सुवाळ्याक ते हाजीर आसतले. सोशल मिडियाचेर शेअर केल्ल्या संदेशांत तांणी सांगलें, 31 मार्च 2026 मेरेन राज्य पुरायपणान नक्सलवाद मुक्त करपाचो थाराव साध्य करपाचे दिकेन देश स्थिरपणान वता.

१४५

भारतीय विमानतळ प्राधिकरणान भारतांतलें पयलें सहकारी रायड-हेलिंग प्लॅटफॉर्म भारत टॅक्सी वांगडा संमजीकायेची कबलात केल्या जाकालागून  जायत्या विमानतळांचेर नियंत्रीत आनी प्रवाशांक अनुकूल कॅब सेवा सुरू करतले . भारत टॅक्सीच्या व्यापक विस्तार रणनितीचो हो एक भाग आसा. ह्या म्हयन्याचे सुरवेक कैंद्रीय घर आनी सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी  देशांतली पयली सहकारी टॅक्सी सेवा म्हणून ही सेवा औपचारीकपणान सुरू केली. सगळ्या शारी आनी विमानतळ क्षेत्रांत नियमित ऑपरेशन्स, वित्तपुरवण  आनी एकत्रीत उपाय दिवपा खातीर हे सेवेन दिल्ली येरादारी पुलीस, दिल्ली मेट्रो रेल्वे म्हामंडळ, भारतीय स्टेट बँक आनी हेर जायत्या संघटनां वांगडा भागीदारी केल्या. हे भागीदारी वरवीं विमानतळ वाठारांत विस्वासांई येरादारी सेवा मेळटली. राष्ट्रीय सहकारी उदरगत म्हामंडळान प्रमोट केल्ली आनी मुखेल सहकारी संस्थांचो आदार घेतिल्ली भारत टॅक्सीसेवा ड्रायव्हरांच्या मालकीच्या खाशेल्या सहकारी मॉडेलाचेर काम करता. पारंपारीक प्लॅटफॉर्मां परस वेगळें, कसलेच अतिरिक्त शुल्क घेनासतना पारदर्शक दराची हमी दिता, प्रवाशांचें वाजिब भाडें सुनिश्चीत करता, तेच बरोबर ड्रायव्हरांचें कल्याण आनी मालकीक प्राधान्य दिता.

१३५

सेशेल्सचो अध्यक्ष पॅट्रीक हर्मिनी, ताची घरकान्न व्हेरोनिक हर्मिनी वांगडा काल पांच दिसांच्या भेटीचेर मुंबयत पावले. तांणी कैंद्रीय बंदरां, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवालहांची भेट घेतली आनी  भारतीय उद्देग संघटणेन (सीआयआय) आयोजीत केल्ल्या भारत-सिशेल्स बिझनेस गोलमेज परिषदेत वांटो घेतलो.  फाटल्या 50 वर्सांत दोनूय देशांचे संबंद घट जाल्यात आनी हो सहकार आनीक घटमूट करपाक आपूण

उत्सुक आसा. संवसारांतली चवथी व्हड अर्थवेवस्था म्हूण आपलो देश भारताक मान दिता अशें ताणी  सांगलें. दोनूय देशां मदीं लोकां मदल्या संबंदांचेर आनी दर्यावेल्या संबंदांचेर आदारिल्ली विस्वासपात्र भागीदारी आसा, जातूंत भलायकी जतनाय, शिक्षण, दर्यावेल्या सुरक्षा आनी आपत्ती वेवस्थापनाच्या मळार सहकार्याचो आस्पाव आसा अशे केंद्रीय मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी सांगलें,.

२५

भारत- अमेरिका व्यापार कबलातीचची कृषी  मंत्री शिवराज सिंह हांणी तोखणाय केली आणि म्हणला की या कबलातीक लागुन भारतीय शेतकऱ्यांक पूराय संरक्षण आनी शेतकऱ्यांचे हित महत्वाचे आसा Byte १९ सेक

१३० 2026-2047 ह्या काळात भारताच्या उदरगतीचो विचार करून

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सितारामण हाणी सादर केल्लो

अर्थसंकल्प विकसित भारताची घटमुट बुनयाद रोवपी आसा अशे मत केंद्रीय बायलां आनी भुरगी खात्याची मंत्री अन्नपुर्णा देवी  यादव हीणे व्यक्त केला.काल पणजे भाजप मुख्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ती उलयताली. गोंयाक पर्यटन,sea food export तशेंच शेतकी मळार केंद्रीय अर्थसंकल्पात केल्ल्या तरतुदीचो फायदो जातलो असो विस्वास ताणी उक्तायला.Byte: Annapurna

काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर जाल्ले टी-20 विश्वचषकाचे तिसरे मॅचींत भारतान अमेरिकेक 29 धांवड्यांनी हारयलो.

फुटबॉलांत नेपाळांतल्या पोखरा स्टेडियमाचेर जाल्या बायलांच्या 19 वर्सां सकयल्या क्षिण आशियाई फुटबॉल फेडरेशन (एसएएफएफ) सर्तीच्या निमाणे खेळात भारतान बांगलादेशाक 4आड -0 अशी मात करून खिताब जिखलो.

परतून एक फावट काय  मुखेल खबरो

भारतीय समाजा हो भारत आनी मलेशियाक जोडपी ‘जिवित पूल’ आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.

भारत-अमेरिका अंतरीम वेपार कबलात  निष्पक्ष, न्याय्य आनी  संतुलित आसा, जाका लागून शेतकारांच्या हिताची राखण जाता अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी म्हणला .

घरमंत्री अमित शाह छत्तीसगडातल्या रायपूरांत अतिरेकीवादावेल्या उच्चल्या पांवड्यावेल्या सुरक्षा नियाळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले

काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर जाल्ले टी-20 विश्वचषकाचे तिसरे मॅचींत भारतान अमेरिकेक 29 धांवड्यांनी हारयलो

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे फुडले खब्रापत्र तुमका आयकुक मेळटले सांजे साडेस वरांचेर नमस्कार